**डिसेंबरासावन दीर्घकालीन रस्तो सुरक्षा उपायांची अंमलबजावणी करपाचे मुख्यमंत्र्यांचे उतर**

**ता. 21 ऑक्टोबर 2022**

आयज पणजे इंस्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत "व्हॉइस युवर ओपिनियन" ह्या लोकाभिमुख उक्तो मंच आनी रस्तो सुरक्षा वेवस्थापनाचेर चर्चासत्राचे आयोजन केल्ले. चर्चा सत्राच्या उक्तावण कार्यक्रमात उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणले की, सरकार हे लोकांचे सरकार आसा आनी त्या खातीर लोकांच्यो सुचोवण्यो मागोवपाखातीर ह्या ओपन फोरमाचे आयोजन केल्ले आसा. जर ह्या ओपन फोरम चर्चासत्राचो हेतू यशस्वी जालो जाल्यार अशाच तरेन लोकहिताच्या म्हत्वांच्या विशयांचेर अशा चर्चासत्रांचे आयोजन करून लोकांच्यो सुचोवण्यों आनी मतां जाणून घेवपात येतली, अशें तांणी सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान फुडें सांगलें, की, आयच्या सुचोवण्यांचेर आदारीत 15 दिसांत अहवाल तयार करतले आनी रस्त्यावयले अपघात कमी करपाखातीर प्रत्येक विभागाकडल्यान कसले उपाय करप शक्य आसा, हाचो नियाळ घेतले. तांणी फुडें सांगलें, की सरकार ह्या वर्साच्या डिसेंबरासावन अल्पकालीन आनी दीर्घकालीन रस्तो सुरक्षा उपायांची अंमलबजावणी सुरू करतले. शाश्वत विकासाचे उद्दिश्ट 3.6 हे रस्तो अपघातांक लागून जावपी मरणाचे प्रमाण कमी करपाखातीर आशिल्लें, हांचो उगडासय तांणी उपस्थितांक करून दिलो.

येरादारी मंत्री श्री माविन गुदिन्हो हांणी ह्या ओपन फोरमाचो उद्देश लोकांक विश्वासात घेवन उपाय काडप हो आसा. सरकार लोकांच्या हिताखातीर जे बरे आसा तेच करपाचे काम करता, अशें सांगलें.

भौशीक बांधकाम मंत्री श्री नीलेश काब्राल हांणी सांगलें की, भौशीक बांदकाम खात्यान राज्यातल्या अनेक रस्त्यांचेर ब्लॅक स्पॉट्सांचो सोद घेवन उपाय केल्ले आसा. पुण कांय जाग्यार जमीन संपादनाच्या अडचणीक लागून आजून खुबशा अपघातग्रस्त जाग्यांचेर उपाय करपाचे उरल्यात. हाचेर उपाय काडपाखातीर लोकांनी सरकाराक सहकार्य करपाचो उलो तांणी ह्या वेळार मारलो.

ह्या चर्चासत्रात येरादारी पुलीस विभाग, भौशीक बांधकाम विभाग आनी येरादारी खात्याचे अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक पुलीस महासंचालक श्री जसपाल सिंग हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात येरादारीचे वेवस्थापन हे साबार विभागांचे काम आशिल्ल्याचे सांगून रस्तो सुरक्षा उपायांची अंमलबजावणी करपा खातीर लोकांचे सहकार्य म्हत्त्वाचे आशिल्ल्याचे सांगलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/657

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji